Panaji National

4th October 2026 0840

- फाटल्या दशकभरात वित्तीय शिस्त, मुळाव्या साधनसुविधां मदीं गुंतवणूक आनी सातत्यपूर्ण सुधारणांच्या माध्यमांतल्यान भारताचे अर्थीक बळगें आनी लवचीकता निर्माण जाल्या अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलें.

- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांणी सांगलें की, भारतीय न्याय संहिता (BNS) पुरायपणान लागू जाल्या उपरांत भारताची फौजदारी न्यायव्यवस्था जगांतली सगळ्यांत आधुनिक न्यायव्यवस्था जातली.

- लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी वेगवेगळ्या मंत्रालयांकडेन संबंधित साबार संसदीय समित्यांची पुनर्रचना केल्या.

- एशियन गेम्स 2026 चो आज समारोप जाता.

FM – 170

फाटल्या दशकभरात वित्तीय शिस्त, मुळाव्या साधनसुविधां मदीं गुंतवणूक, बँकींग क्षेत्रांतली सुदारणा, सेवा वितरण यंत्रणेंत सुदारणा, आनी सातत्यपूर्ण सुदारणा हांच्या एकत्रीत परिणामांतल्यान भारताचे अर्थीक बळगें आनी लवचीकता निर्माण जाल्या अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलें.

नवी दिल्लीत आयोजित पाचव्या कौटिल्य आर्थिक संमेलनात त्यो काल उलयताल्यो. अर्थमंत्र्यांनी म्हळें, सरकारान माल आनी सेवा कर (GST), दिवाळखोरी आणि नादारी संहिता (IBC) तसेच चार कामगार संहितांच्या माध्यमाtlyan राष्ट्रीय आर्थिक चौकट आनीक सक्षम केल्या.

पायाभूत सुविधा विकासा विशीं उलयतना सीतारामन हांणी सांगलें की, चालू आर्थिक वर्सा खातीर 12.22 लाख कोटी रुपयांच्या भांडवली खर्चाची तरतूद केल्या. 2014 सावन राष्ट्रीय महामार्गांच्या जाळ्याचो विस्तार सुमार 61 टक्क्यांनी जाला आनी कार्यरत विमानतळांची संख्या दुपटी परस चड जाल्या, अशें तांणी सांगलें.

पीएम मुद्रा येवजणे खाला आतां मेरेन 52 कोटी परस चड तारणमुक्त रीण मंजूर केल्याचें तांणी अधोरेखित केलें. पीएम आवास येवजण, पीएम उज्ज्वला येवजण, आयुष्मान भारत आनी पीएम गरीब कल्याण अन्न योजना हांचो खासा उल्लेख करत सीतारामन हांणी सांगलें, ह्या येवजनांनी नागरिकांची आर्थिक विकास प्रक्रियेंत सहभागी जावपाची क्षमता मजबूत केल्या आनी वेगवेगळ्या आव्हानांक तोंड दिवपाखातीर तांची क्षमता वाडयल्या.

Shah – 100

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांणी सांगलें की, भारतीय न्याय संहिता (BNS) पुरायपणान लागू जाल्या उपरांत भारताची फौजदारी न्यायव्यवस्था जगांतली सगळ्यांत आधुनिक न्यायव्यवस्था जातली. भारतीय न्याय संहिता पुरायपणान लागू जाल्या उपरांत एफआयआर नोंद जावपापासून ते सर्वोच्च न्यायालय मेरेन प्रकरणांचो निकाल तीन वर्सां भितर लावपाक शकतलें, अशें तांणी सांगलें.

ग्रामीण अर्थव्यवस्थेक नवी चालना दिवपाखातीर, नरेंद्र मोदी सरकार पशुपालनाभोवती एक संपूर्ण इकोसिस्टम विकसित करता; हातूंत शेणापासून बायोगॅस आणि सेंद्रिय खत निर्मिती करण्यापासून ते दुग्धजन्य पदार्थांवचेर प्रक्रिया करप आणि बाजारपेठेची उपलब्धता करून दिवप मेरेन, यांसारख्या उपायांचो आस्पाव आसा अशे केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह हांणी सांगलां.

काल भोपाळांत जाल्ल्या राज्यस्तरीय गो-पालक संमेलनात ते उलयताले.

PM Haryana – 40
हरियाणातल्या भाजपच्या सगळ्या आमदारांनी मुख्यमंत्री नायब सिंह सैनी हांच्या बरोबर काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेतली. सोशल मीडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें की, ह्या भेटी वेळार तांणी आमदारां कडेन वेगवेगळ्या विषयांचेर अर्थपूर्ण चर्चा केली.

Seva Sankalp – 160
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सां पुराय करतात; हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक प्रयत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत, दहशतवादाविरुद्ध कडक कारवाये वरवी हो दृष्टिकोन कृतीत कसो हाडलो हाचे एक उदाहरण आम्ही सादर करता.
26/11 वेळार, जेन्ना पाकिस्तानच्या बंदूकधाऱ्यांनी मुंबई शाराक चार दिस वेठीस धरलें. उपरांत त्या वेळार भारताची जाप कागदपत्रांपुरते मर्यादित आशिल्लें. सप्टेंबर 2016 त भारतीय जवानांनी नियंत्रण रेषा हुंपून दहशतवाद्यांच्या लॉन्च पॅडांचेर हल्लो केलो आनी ते परत आयले. दिल्लीन हि कारवाई उघडपणान जाहीर केली. कारवाई करप जितलें म्हत्वाचें आशिल्लें, तितलेंच ती जाहीर करपय म्हत्वाचें आशिल्लें.

बालाकोटान हे आनीक फुडें व्हेलें. फेब्रुवारी 2019 त मिराज लढावू विमानांनी पाकिस्तानांतल्या एका दहशतवादी तळाचेर हल्लो केलो. 1971 उपरांत आंतरराष्ट्रीय शिम हुपून भारतान केल्लो हो पयलो हवाई हल्लो आशिल्लो. मे 2025 त ऑपरेशन सिंदूराखाला एकाच रातींत णव सुवातींचेर हल्ले केले.

Loksabha – 90
लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी वेगवेगळ्या मंत्रालयांकडेन संबंधित साबार संसदीय समित्यांची पुनर्रचना केल्या. लोकसभेचे 21 वांगडी आनी राज्यसभेचे 10  सदस्यांचो आस्पाव आशिल्ल्या 'वित्त समिती'चे अध्यक्ष म्हणून भाजपचे खासदार भर्तृहरी महताब हाची नेमणूक केल्या. बिर्ला हाणी काँग्रेसचे खासदार शशी थरूर हांची 'परराष्ट्र व्यवहार समिती'चे अध्यक्ष म्हणून नेमणूक केल्या.जाल्यार रेल्वे समितीचे फुडारपण भाजपा खासदार सुधीर गुप्ता करतले. बिर्ला हाणी

लोकसभेच्यो  खासदार डॉ. काकोली घोष दस्तीदार हांची 'रसायन  आणि सारें' समितीच्या अध्यक्षपदार नियुक्ती केल्या.कॉंग्रेसीचो खासदार चरणजीत सिंग चन्नी शेती, पशुपालन, आनी अन्न प्रक्रिया समितीचो अध्यक्ष आसतलो.हया समित्यांचो कार्यकाळ फाटल्या म्हयन्याच्या 26 तारखेक लागू जालो.

Jaishankar – 40
परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल नवी दिल्लींत भारत-रशिया संबंधांचेर जाल्ल्या सल्लागार समितीच्या बसकेची येजमानकी चलयली. हया बसके वेळार डॉ. जयशंकर हांणी व्यापार, गुंतवणूक, उर्जा, संपर्क व्यवस्था, संस्कृती आनी लोक-ते-लोक (P2P) संबंध हांचो आस्पाव आशिल्ल्या भारताच्या बहुआयामी सहभागाच्या वेगवेगळ्या पैलूंचेर उजवाड घालो.

Brazil – 110
ब्राझीलांत आज राष्ट्राध्यक्षपदाच्या वेचणुके खातीर मतदान जातलें. हया वेंचणुकेंत सध्याचे राष्ट्राध्यक्ष लुइझ इनासिओ लुला दा सिल्वा आनी आदले राष्ट्राध्यक्ष जायर बोल्सोनारो हांचे पूत फ्लाविओ बोल्सोनारो हे दोन मुखेल प्रतिस्पर्धी आसात.   राष्ट्राध्यक्षपदाच्या वेचणुकेत 12 उमेदवार आसात. पूण लुला आनी बोल्सोनारो हया दोन उमेदवारांकच ब्राझीलचे फुडले राष्ट्राध्यक्ष जावपाची खरी संधी आसा, अशें मानतात.

80 वर्सांचे लुला सातव्यां फावट राष्ट्राध्यक्षपदाची वेंचणूक लडयतात. जाल्यार, 45 वर्सांचे बोल्सोनारो पयली फावट राष्ट्राध्यक्षपदाची वेंचणूक लडयतात. तांचे बापूय 2019 ते 2022 हया काळांत राष्ट्राध्यक्ष आशिल्ले.

Mah – 30
महाराष्ट्रांतल्या जायत्या जिल्हयांनी दुष्काळाची परिस्थिती जाहीर जाल्ल्यान, शेतकऱ्यांच्यो समस्या आयकून घेवपाखातीर राज्याचे महसूल मंत्री चंद्रशेखर बावनकुळे हांणी काल अकोल्याक भेट दिली. दुष्काळग्रस्त भागातले खचेच शेतकार मदतकार्यापासून वंचित urche ना अशे आश्वासन बावनकुळे यांनी दिले.

Marathi – 90
महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी कृत्रिम बुद्धिमत्ता क्षेत्रांत मराठी भाशेचो चड वापर करपाचें आवाहन केलां. तशेंच डिजिटल प्लॅटफॉर्मांचेर मराठी भाशेंतलें ज्ञान आनी म्हायतीची साधनां मोठ्या प्रमाणार उपलब्ध करून दिवपाची गरज तांणी अधोरेखित केली. ‘अभिजात मराठी भाशा गौरव दिसा’ निमित्त मुंबईंत आयोजीत ‘अभिजात मराठी भाशा सप्ताहा’च्या उद्घाटन वेळार ते उलयताले.

मराठी भाशेचें आनी संस्कृतीचें जतन आनी संवर्धन करपाखातीर राज्य सरकार फुडेंय सातत्यान आदार दितलें, अशे आश्वासन मुख्यमंत्र्यांनी दिले.  उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे हांणी लंडनांत

‘छत्रपती शिवाजी महाराज ग्लोबल मराठी सेंटर’ स्थापन करपाबरोबरच फुडल्या विश्व मराठी साहित्य संमेलनाचें आयोजन लंडनांतच करतले, अशी घोशणा केली.

IMD – 30
भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आज केरळ, माहे, तामिळनाडू, पुद्दुचेरी आनी कराईकलात कांय सुवातींनी मुसळधार पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

मजगतीं, कोंकण आनी गोंयांत फुडले दोन दीस उश्ण आनी दमट हवामान आसपाची शक्यता आसा.

Asian games – 90
एशियन गेम्स 2026 चो आज समारोप जाता.जपानांतल्या नागोया सिटी मिजुहो पार्क एथलेटिक स्टेडियमांत भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 6:00 वरांचेर समारोप सुवाळो सुरू जातलो. भारतान हे खेपे बेस बरी कामगिरी करून वट्ट 85 पदकां मेळयलीं, तातूंत 21 भांगरा, 27 रुप्या आनी 37 कांस्य पदकांचो आस्पाव आसा.

आशियाई खेळांत हॉकींत भारतान मलेशियाचो 5-1 अशो दणदणीत पराभव करून दादल्याच्या हॉकींतलें आपलें भांगरा पदक राखलें. ह्या जैताक लागून भारतान 2028 च्या लॉस एंजेलिस ऑलिम्पिकाखातीर थेट पात्रताय सुद्दां मेळयली.
दादल्यांच्या क्रिकेटांत निशिनांत जाल्ले टी-20 फायनलींत भारतान कट्टर प्रतिस्पर्धी पाकिस्तानाक 19 धांवड्यांनी हारोवन भांगरा पदक जिखलें.